राष्ट्रीय खबरो ३१.०१.२०२६ @ ८.४० Am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी व्हॅनेझुएलाचे कार्यवाहक राष्ट्रध्यक्ष डेल्सी रॉड्रिगीस हानी परस्पर हिताच्या वेगवेगळ्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारविनिमय केलो
- 16 ते 20 फेब्रुवारी मेरेन नवी दिल्लींत भारत-एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 ही संवसारांतली आतां मेरेनची सगळ्यांत व्हडली एआय परिशद आसतली अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें
- भारत-अरब परराश्ट्र मंत्र्यांची दुसरी बसका आयज नवी दिल्लींत जातली
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज सांजवेळा तिरुवनंतपुरमांतल्या ग्रीनफील्ड आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर पांचवे आनी निमाणे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत न्यूझीलंड आड खेळटलो.

मोदी 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी व्हॅनेझुएलाचे कार्यवाहक राष्ट्रध्यक्ष डेल्सी रॉड्रिगीस हानी वेपार आनी गुंतवणूक, उर्जा, डिजिटल तंत्रगिन्यान, भलायकी, शेतकी आनी लोकां मदले संबंद अशा सगळ्या क्षेत्रांनी द्विपक्षीय भागीदारी आनीक वाडोवपाक आनी विस्तार करपाक मान्यताय दिल्या. काल व्हॅनेझुएलाच्या कार्यवाहक राष्ट्रध्यक्षाचो फोन आयिल्ल्याचें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. दोनूय फुडाऱ्यांनी परस्पर हिताच्या वेगवेगळ्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचार/विनिमय केलो आनी 'ग्लोबल साउथ' खातीर तांच्या लागींच्या सहकार्याचें महत्त्वाचेर भर दिलो.

Ashwini 70

16 ते 20 फेब्रुवारी मेरेन नवी दिल्लींत जावपी भारत-एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 ही संवसारांतली आतां मेरेनची सगळ्यांत व्हडली एआय परिशद आसतली अशें

इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, कि एआय इम्पॅक्ट समिटांत शंबरां परस चड मुखेल कार्यकारी अधिकारी (ceo) वांटो घेतात. भारतान आपली एआय ECOSYSTEM विकसीत केल्ल्या पद्दतीची तांणी तोखणाय केली आनी ती  प्रोत्साहन दिवपी, अशें म्हणलें.

सीतारमण 130

केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२६-२७ सादर केल्या उपरांत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण देशातल्या वेगवेगळ्या भागात सुमार तीस महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांकडे संवाद साधतली. या उपक्रमाचो एक भाग म्हणून, महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांक लोकसभेच्या गॅलरीतल्यान केंद्रीय अर्थसंकल्पाचे थेट सादरीकरणय पळोवंक मेळटले . अर्थ मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की हाका लागुन त्यांका VARSAतल्या सगळ्यात महत्त्वाच्या संसदीय कामकाजांपैकी एक पळोवपाची संध मेळटली. भारतातल्या विविध राज्यांतल्यान वाणिज्य, अर्थशास्त्र, वैद्यकीय शिक्षण आणि व्यावसायिक अभ्यासक्रमां सयत विविध शैक्षणिक विषयांतल्यान हे विद्यार्थी येतात. विद्यार्थी अर्थ मंत्रालयालाकय भेट दितले आणि मंत्रालयाचे कामकाज, धोरण तयार करपाची प्रक्रिया आणि राष्ट्र उभारणीत संस्थांची भूमिका समजून घेवपाक वेगवेगळ्या  वरिष्ठ अधिकाऱ्यांकडे संवाद साधतले.सांजे MANTRI सीतारमण विद्यार्थ्यांकडे संवाद साधतली आणि अर्थसंकल्पाच्या प्रमुख प्राधान्यक्रमांचेर, भारताच्या फुडारा खातीर त्याचे दृष्टिकोन आणि तरुणां खातीर त्याचे परिणाम हाचेर मुक्त चर्चा करतली. या संवादा वेळार विद्यार्थी त्यांचे विचार, दृष्टिकोन आणि आकांक्षा सामायिक करतले आणि युवक आणि राष्ट्राविषयी त्यांचे विचार मांडतले

नड्डा 110

केंद्रीय मंत्री जेपी नड्डा हाणी म्हणला की राष्ट्रीय बायला आयोग बायलांच्या सुरक्षिततेची खात्री करून आणि त्यांच्या हक्कांचो प्रचार करपाक वॉचडॉग म्हणून

काम करता.  नवी दिल्लीत राष्ट्रीय बायला आयोगाच्या चवतिसाव्या स्थापना दिसाच्या समारंभात उलयताना नड्डा हाणी म्हणाले की शारीरिक आणि मानसिक कल्याण हे बायला सक्षमीकरणाचे महत्त्वाचे पैलू आसात. भलायकी क्षेत्रात एक व्हड बदल जाला अशे ताणी  म्हणाले. त्यांनी सांगले  की २०१७ च्या भलायकी धोरणात, सरकारान उपचा/रात्मक दृष्टिकोनापासून व्यापक दृष्टिकोनाकडे वाटचाल केल्या , जातुन प्रतिबंधात्मक भलायकी-सेवेचेर भर दिला. नड्डा हअनि म्हणाले की देशभरात १ लाख एकयायशी  हजारांपरस चड आयुष्मान भलायकी मंदिरां कार्यरत केल्यात, जातुन माता आणि बाल भलायकी सेवेक सर्वोच्च प्राधान्य दिला  अशी माहिती त्यांनी दिली. बायला-केंद्रित धोरणां ही राष्ट्रीय प्राधान्य उरतली हाची ताणी पुष्टी केली

पुरी 100

इंडिया एनर्जी वीक २०२६ चो काल समारोप जालो. केंद्रीय पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी यांनी चौथ्या आवृत्तीचे वर्णन आश्वासक आणि प्रभावी आसा अशे  केले. समारोप सुवाळ्यांत उलयतना केंद्रीय मंत्री पुरी हांणी सांगलें की, ह्या कार्यावळींत जागतीक सीईओचो व्हड वांटो आशिल्लो आनी आंतरराष्ट्रीय कंपन्यांनी खोल रुची दाखयली. वीज, गॅस आनी जहाजबांधणी क्षेत्रांत जायत्यो कबलाती जाल्यात. नव्या  जागतीक कंपनींक,  भारतीय कंपनीं कडे सहकार्य करपाची उमेद आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. भारत उर्जा सप्तक संवसारांतलें दुसरी  व्हड उर्जा माची म्हणून पयलींच उदेलां आनी हरित हायड्रोजन, संकु/चित बायोगॅस, ल्हान मॉड्यूलर reactors  आनी हेर उदेते  तंत्रगिन्यान ह्या सारक्या जायत्या क्षेत्रांचो व्यापक आस्पाव आशिल्ल्यान तो अद्वितीय आसा अशें मंत्री पुरी हांणी सांगलें. **Byte**

आता मुखवेलयो खबरो

अरब अमीरात 40

भारत-अरब परराश्ट्र मंत्र्यांची दुसरी बसका आयज नवी दिल्लींत जातली. हे बसकेचे सह-अध्यक्षपण भारत आनी संयुक्त अरब अमीरात करतले. हे बसकेंत अरब लीग वांगडी देशांचे परराश्ट्र मंत्री आनी अरब लीगचे सरचिटणीस हाजीर आसतले. भारता वतीन नवी दिल्लींत आयोजित जावपी ही पयली भारत-अरब परराश्ट्र मंत्र्यांची बसका.

जयशंकर 75

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी त्यांचे लिबियन सम पदस्थ लिबियाचे एल्ताहेर एल्बाओर हांचेकडे व्यापार, व्यवसाय, मुळाव्यो सुविधा आणि ऊर्जा क्षेत्रात सहकार्य वाडोवपा विशी फलदायी चर्चा केली. सोशल मीडिया पोस्टत, डॉ. जयशंकर हांणी म्हणले की, लिबियातल्या परिस्थितीबद्दल  एल्बाओर यांनी दिल्या माहितीचे तांका कौतुक आसा. त्यांनी या प्रदेशात शाश्वत शांतता आणि स्थिरते खातीर संवाद आणि राजनयिकतेच्या भारताच्या समर्थनाचेर भर दि लो..

शाहा 150

गृहमंत्री अमित शाहा हानी आसामांतल्या दिब्रु/गडांत दुसरें विधानसभा संकुल सयत 1,715 कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचें उक्तावण केलें.आसामाचे मुख्यमंत्री हिमंत बिस्वा सर्मा, केंद्रीय मंत्री सर्बानंद सोनोवाल आनी हेर मानेस्तांच्या हाजिरेंत गृहमंत्री अमित शाहा हानी ह्या प्रकल्पांचें अनावरण केलें. दिब्रुगड हें दुसरें प्रशासकीय केंद्र म्हूण स्थापन करपाच्या सरकाराच्या यत्नांतल्यान शाहा हानी दोनशेचवऱ्यायशी  कोटी रुपयांच्या दुसरें विधानसभा संकुल आनी आमदार वसती/घराची बुन्याद घाली
दिब्रुगडांत जाल्ले भौशीक बसकेंत उलयतना शाहा हानी भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलातिक लागून आसामाची युरोपीय देशाची निर्यात वाडटली अशें सांगलें. आसाम हुंवार/मुक्त करपा खातीर केंद्र सरकारान जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें सांगून उदरगत, शांतताय, सुरक्षा, उद्देगीक वाड आनी हुंवार मुक्त आसाम खातीर येवपी विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपाक तेंको दिवपाचें आवाहन मतदारांक केलें. आदल्या कॉंग्रेस सरकारांनी राज्या कडेन दुर्लक्ष केलां असो आरोप करून तानी सांगलें कि , कॉंग्रेस घुसखोरीचो उपेग मत-बँक राजकारणा खातीर साधन म्हणून

करता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल केंद्र सरकारान आसामाचे उदरगती खातीर व्हड मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्प हाडल्यात अशें तांणी सांगलें.
**Byte**

Rashmi 120

भाजपाचे नवे राश्टीय अध्यक्ष नितीन नबीन दोन दीस गोंय भेटीचेर आसात.काल सकाळी ते गोंयात पावले ह्यावेळर तांका पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी भाजपाच्या कार्यकर्त्यां सयत पेडणे मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार येवकार दीलो.ते उपरांत पणजे भाजप मुख्यालयात तांका भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक आनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, तशेंच मंत्री आनि आमदार आनी भाजपाच्या कार्यकर्त्यांनी येवकार दीलो. आज कार्यकर्ता सन्मेलनात नितीन नबीन भाजपाच्या कार्यकर्त्यांक संबोधीत करतले. भाजपा राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय जनता पक्ष 2027 वर्सा गोंय विधानसभा वेंचणूक जिखून 2029 वर्सा राष्ट्रीय पांवड्यार परतून सत्तेर येतलो असो विस्वास गोयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला.

स्पोर्ट्स 20

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज सांजवेळा तिरुवनंतपुरमांतल्या ग्रीनफील्ड आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर पांचवे आनी निमाणे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत न्यूझीलंड आड खेळटलो.

वेदर 40

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उत्तर प्रदेशांत दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो अदमास दिला. तशेच मध्य महाराष्ट्रांतल्या कांय वाठारांनी 2 फेब्रुवारी ते 3 फेब्रुवारी मेरेन दोन दीस हल्को पावस वा गडगडपाचो अदमास दिला.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी व्हॅनेझुएलाचे कार्यवाहक राष्ट्रध्यक्ष डेल्सी रॉड्रिगीस हानी परस्पर हिताच्या वेगवेगळ्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारविनिमय केलो
- 16 ते 20 फेब्रुवारी मेरेन नवी दिल्लींत भारत-एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 ही संवसारांतली आतां मेरेनची सगळ्यांत व्हडली एआय परिशद आसतली अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें
- भारत-अरब परराश्ट्र मंत्र्यांची दुसरी बसका आयज नवी दिल्लींत जातली
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज सांजवेळा तिरुवनंतपुरमांतल्या ग्रीनफील्ड आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर पांचवे आनी निमाणे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत न्यूझीलंड आड खेळटलो.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका AYKUNK मेळतले  सांजेच्या 6 वरा 30 मिंटांचेर